Panaji

प्रादेशिक खबरो

11.11.2025 @ 7.20 pm

- दिल्ली जाल्या बॉम्ब स्फोटाच्या फांटभुयेर गोंयांत लेगीत सुरक्षेच्या नदरेतल्यान कडक बंदोबस्त लागु केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या
- भगवान बिरसा मुंडा हांच्या १५० व्या जयंती निमतान शेनवार १५ नोवेंबरक मडगांवां एक व्हड मिरवणूक जावपाची आसा.
- आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव म्हणल्यारुच इफ्फीची तयारी पाच दिसाभितर पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.
- 14 ते 20 नोव्हेबर ह्या काळात 72 वो सहकार सप्तक मनयतले

दिल्ली जाल्या बॉम्ब स्फोटाच्या फांटभुयेर गोंयांत लेगीत सुरक्षेच्या नदरेतल्यान कडक बंदोबस्त लागु केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. सोमारा राती एका मोटीरत दवरील्लया बोम्बान हो स्फोट घडोवन हाडील्लो. लाल किल्लयाच्या मेट्रो स्टेशनाच्या वाठारात हो बॉम्बस्फोट जाला. हे फांटभुयेर दिल्ली, तशेंच मेट्रो सिटी आनी देशातली हेर राज्यानी सध्या high alert तशेंच चोख पुलिस बंदोबस्त दवरला.गोयातुंय ह्या फांटभुयेर चोख सुरक्षा वेवस्था दवरला अशे मुखेलमंत्र्यान सांगले.

आयज सांजवेळा 4:00 मेरेन वट्ट 11,85,034 मतदारांतले 14,067 गणना फॉर्म मेळ्ळयात जें 1.19% आसात अशी म्हायती मुखेल वेंचणूक अधिकारी आल्तिन्हो-पणजीच्या कार्यालयान दिल्या. गोंयांत एसआयआर सुरू जाले उपरांत 11,85,034 गणना फॉर्म छापले आनी सुमार ९९.९६% गणना फॉर्म मतदारांक पयलींच वितरित केल्यात. तशेंच मतदारांनी voters.eci.gov.in चेर भेट दिवन आपले गणना फॉर्म ऑनलायन सादर करूं येतात.

वट्ट ७९.३२ कोटी रुपया खर्चून शिरवडे-मडगाव हांगा बांदपा अशिल्या नव्या एसटीपी म्हळयारच घाणयाऱ्या उदकाचेर प्रक्रिया करपी सुदारित प्रकल्पाचो आयज भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांचे हस्तुकी बुन्यादी फातर घालो. कायद्या प्रमाण सगळयांनी एसटीपी जोडणी घेवप सक्तीचें आसा. ही जोडणी घेवंक नाशिल्ल्यांचेर कारवाय करपाची तरतूद कायद्यांत आसा. पूण सरकारान अजून हे बाबतींत खर पावलां उबारूंक नात. सरकारान सवलतीच्या दरात लोकांक ही सुविधा मेळोवन दिवपाचे थारायला. हाचो लोकांनी

फायदो घेवचो असो उलो दिगंबर कामत हांणी मारलो. ह्या वेळार म्हामंडळाचे अध्यक्ष संकल्प आमोणकार, आमदार उल्हास तुयेकर आनी नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी आपले विचार मांडले.

वास्को वाडेनगरच्या श्री विश्वनाथ आर्लेकर मेमोरियल उच्च माध्यमिक शाळा, आनी रवींद्र भवन बायणा वास्को हांणी संयुक्तपणान अखिल गोंय आंतर उच्च माध्यमिक आनी आंतर माध्यमीक शाळा देशभक्ती गीत गायन सर्त आयोजीत केल्या. जय भारतम ह्या सर्तीची ही तिसरी आवृत्ती. ही सर्त 29 नोव्हेंबर ह्या दिसा बायणा वास्को रविंद्र भवनात सुरू जातली

भवानीपुर बाबा बदरूद्दीन शाहा वेलफर सोसायटी ही बिगर सरकारी संस्था गोंयात लोंच जाल्या.गोंयातल्या गरजू आनी अर्थिकरीत्या दुबळे आशील्ल्या घटकांक घटमुट करपाखातीर ही संस्था काम करतली .तशेंच आदीवासी समाजाच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान लेगीत ही संस्था काम करतली अशी म्हायती ह्यावेळार संघटनेचे अध्यक्ष शशीकुमार वाय.के हांणी पणजे घेतील्ला पत्रकार परीशदेवेळार दील्या.
गोंयांतल्या तरणाट्यांक स्वयंरोजगार संद दीवपाखातीर तशेंच गोंयचो शेतकी मळाच्या उदरगतीखातीर संघटनेच्या जाळवणदारांनी काम सूरू केल्ल्याची म्हायती ह्यावेळार संघटनेची राश्टीय बायला विभागाची मुखेली फ्रेंसिना मेरी हीणे दील्या. संघटनेवरवी,कृशी,शिक्षण,भलायकी ,समाजिक कार्यावळी तशेंच हेर उपक्रम राबयता अशी म्हायती ह्यावेळार संघटनेचे वांगडी सुरेश परगनवार हांणी दील्या. ह्यावेळार संघटनेचे हेर वांगडी हाजीर आशील्ले.

आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव म्हणल्यारुच इफ्फीची तयारी पाच दिसाभितर पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. इफ्फीचो उक्तावण सुवाळो २० नोव्हेबराक आयनोक्स वाठारात दनपरा साडेतीन वराचेर सुरु जातलो. जाल्यार सुमार तीन वराची कार्यावळ ह्यावेलार जातली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय मनरिजवण संस्था, तशेचं पोरणी जीएमसी आनी आयनोक्स वाठारात इफ्फीच्या च्या सेट- अपाची तयारी कशी आसतली तांचो गोय मनरिजवण संस्थेचे मुखेल अधिकारी,आश्विन चंद्रु, तशेंच हेर अधिकाऱ्यासायत नियाळ घेतलो. अंदुचो इफ्फीचो उक्तवण सुवाळो भव्य दिव्य आसतलो. मात तातुंन सिनेमा मळावेल्या चित्ररथांचे आगळे वेगळे खाशेलपण आसतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

परेड पळोवपाक लोकांक तशेचं इफ्फीच्या उक्तावण सुवाळयाच्या सुवातीर आसन व्यवस्था, सजावट, निमंत्रितांचो प्रवेश,इफ्फी पळोवक येवप्या खातीर वेवस्था हे विशी ह्यावेळार चर्चा जाली. इफ्फीच्या थळार निमंत्रितां खातीर ५०० जणांची आसन वेवस्था, जाल्यार सुमार १५०० गोंयकारांक बसपाची वेवस्था आसतली अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

भगवान बिरसा मुंडा हांच्या १५० व्या जयंती निमतान शेनवार १५ नोवेंबर दिसा मडगांवां एक व्हड मिरवणूक जावपाची आसा. अादिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज ह्याविशी उच्चस्तरीय बसका आपोवन मिरवणुकीच्या तयारीचो आढावो घेतलो.
दक्षिण गोंय जिल्हाेधिकारी कचेरेत तवडकर हांच्या येजमानकेखाला ही बसका जाली. ह्यावेळार दक्षिण गाेंयच्यो जिल्होधिकारी **ॲ**ग्ना क्लिटस, आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक निलेश धायगोडकार तसेच येरादारी विभागाचे पुलीस हाजीर आशिल्ले

गोंयच्या येवपी आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी खातीर प्रसार माध्यमांचो प्रसार वाडोवपाक पत्रकार म्हायती ब्युरोन जायते नवे उपक्रम जाहीर केल्यात. पत्रकारां कडेन संवाद सादतना पीआयबीचे मुखेल संचालक धीरेंद्र ओझा हांणी सांगलें की फाटल्या वर्साच्या महोत्सवा खातीर 700 वयर पत्रकारांक मान्यताय मेळीली. जी आतां मेरेनची सगळयांत चड तशेच फिल्म निर्माते, जूरी वांगडी आनी कलाकारा वांगडा 50 वयर पत्रकार परिशदो घडोवन हाडल्यो. अंदू पीआयबी कोंकणी सयत 18 भाशांनी बहुभाषिक प्रेस रिलीज करतले आनी पत्रकार परिशदेचें एचडी फोटो कॅप्शन आनी लायव्ह युट्युब कव्हरेजय दितले. जाल्यार मान्यताय प्राप्त पत्रकारां खातीर फिल्म कौतुक अभ्यासक्रम 18 नोव्हेंबर सावन सुरू जातलो.पीआयबी मायक्रोसायट प्रेस रिलीस , फोटो आनी लायव्ह इव्हेंट लिंका खातीर एक स्टॉप हब म्हणून काम करतले. उक्तावण सुवाळयाचें स्वरूप निमाणें करपाचें काम सुरू आसा आनी प्रसारण सामुग्री खातीर कॉपीराइट मार्गदर्शक तत्वां आदींच स्पश्टपणान सांगतले अशेंय अधिकाऱ्यांनी स्पश्ट केलां.

14 ते 20 नोव्हेबर ह्या काळात 72 वो सहकार सप्तक मनयतले अंदु सहकार मळाच्या माध्यमातल्यान आत्मनिर्भर भारताक योगदान दिवप ह्या संक्लपनेचेर आधारीत सहकार सप्तक मनयतले अशी म्हायती गोय सहकार संघाचे अध्यक्ष विजयाकांत गांवकार हांणी पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या. अंदु फोणेचे दत्तात्रय नायक बेस्ट कोरपरेटर, जाल्यार पणजेच्या द भंडारी मल्टीपर्पज को- ओपरेटीव्ह सोसायटीचे अध्यक्ष गुरुनाथ नायक हांका उत्कृस्ट अध्यक्ष म्हण वेच्ल्यात. शिरोडा सहकारी गुगध वेयाय संस्थेचे सचिव हांका

उत्कृश्ठ सचिव, माशेलच्या श्री कृश्णा विविध कार्यकारी सहकारी संस्था मर्यादित ह्या सोसायटीक उत्कृश्ठ सहकार सोसायटी, दिवचलच्या अभिनव सहकारी दुग्ध वेवसाय संस्थेक उत्कृश्ठ दुग्द उत्पादन सोसायटी, दिवचलच्या दिनयाळ मल्टीपर्पज को – ओपरेटीव्ह सोसायटी, केपेच्या east quepem consumer society उत्कृश्ठ कन्स्युमर सोसायटी, तशएंच बेतीच्या मांडवी पीशरमेन कोपरेटीव्ह सोसायटीक उत्कृश्ठ सोसायटी म्हण पुरस्कार फावो जाला असी म्हायती विजयांकात गावकार हांणी दिल्या.

गोवा प्रदेश महिला काँग्रेस फाट्यान आयज "नेतृत्व सृजन" पक्षाच्या बायला वांगड्याक प्रशिक्षण दिवपी कार्यावळीचे उक्तावण केले. ह्यावेळार कॉंग्रेस पक्षाची राश्ट्रीय अध्यक्ष अलका लांबा, कॉंग्रेसीची ज्येष्ठ फुडारी डॉ. अंजली निंबाळकार, गोवा कोन्ग्रेस प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार ,विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, कॉंग्रेसीची फुडारी प्रज्योती हंडोरे, माणिकराव ठाकरे तशेंच गोंय महिला कॉंग्रेसीची अध्क्ष प्रतिक्षा खलप हाजीर आशिल्ले. नेतृत्व सृजन ही फकत दोन दिसाची प्रशिक्षण कार्यावळ न्ही , जाल्यार ही कार्यावळ मार्दगर्शन करपाच्या नदरेतल्यान काळाची गरज आसा, कॉंग्रेस पक्षाची विचारसरणी सर्वोदयाक महत्व दिता, अशे ह्यावेळार गोंय महिला कॉंग्रेस पक्षाची अध्यक्ष प्रतिक्षा खलप हांणी म्हणला. विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणले की हे प्रशिक्षण बरी बायला फुडारी तयार करतली. गोंय पक्षाचे गोंय प्रभारी माणिकराव ठाकरे हांणी म्हणले की गोंयांत जावपी वेगेवगळया विशयाचेर गोंयची कॉंग्रेस महिला कडकसाणीन भुमिका घेतात.

जेनो फार्मास्युटिकल्स प्रायव्हेट लिमिटेडचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ.सागर साळगांवकार हांची असोचॅम हे संस्थेचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक जाल्या.गोंय राज्य परिशदेचो अध्यक्ष म्हणून तानी भार साम्बालो घेतला. उमंग सॉफ्टवेअर टेक्नॉलॉजीज प्रायव्हेट लिमिटेडचे सीईओ,श्री मंगीरीश सलेलकार हांणीय सह-अध्यक्षपदाचो ताबो घेतला.

गोवा फुटबॉल असोसीएशनाच्या प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीत गोवा पुलिस पगडान चर्चिल ब्रदरसाक 1 आड 0 गोल फरकान हारायले.
मडगाव क्रिकेट अकादमी वतीन एक सपटेमबर वा ताचे उपरांत जन्मल्या दक्षिण गोय क्रिकेटपटू खातीर फाल्या आणि परवा दनपारा 3 क KRC मैदानाचेर निवड चाचणी दवरल्या

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण चडशे वताळ आस्तले.